18th February 2026

7.25am

आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा

CM RASHMI /GANESH -

प्रशासकीय सेवा ऑनलाईन दीवपाच्या हेतान, सरकारान चॅटबॉट ही यंत्रणा चालीक लायल्या. गोंयच्या डिजिटल प्रवासांत, हो चॅटबॉट पारदर्शकताय आनी नागरिक केंद्रीत सेवा वाडयतलो, अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा. ही यंत्रणा सदाच्यो लागपी सेवा स्वयंचलीत करतली, कर्मचाऱ्यांचो कामाचो भार उणो करतली, आनी गोवा ऑनलायन पोर्टलावरवीं, सगळ्या सरकारी खात्यांत विस्तार करतली. जापसालदार आनी सुरक्षीत एआय सेवा दिवपा खातीर, आमी कटिबद्ध आसा, अशेंंय मुखेलमंंत्र्यांनी सांंगलें.

पुराय सप्तक, चोवीसुय वरा सेवा दीवपी ही यंत्रणा, तंत्रज्ञान चालीक लायिल्ल्या ई-गव्हर्नन्सांत एक आदर्श थारतली, अशे म्हायती आनी तंत्रगिन्यान खात्याचे मंत्री रोहन खंवटे हांणी ह्यावेळार म्हणला.

सुशांत -

कुंकळ्ळी उद्देगिक वसणुके लागसार येवपी ,नव्या फिशमिल प्रकल्पाक गोंय प्रदुषण नियंत्रण मंडळान 'कन्सेट टू ऑपरेट' ही मान्यताय दिल्या, ती फुडल्या धा दिसांभितर फाटी घेवची, अशी मागणी विरोधी पक्ष फुडारी अाणि कुंकळ्ळीचे आमदार युरी आलेमाव हाणी केल्या. काल  या प्रक़ल्पाक विरोध करपी सुमार १०० आंदोलक, युरी आलेमाव हांचे कडेन आयिल्ले. ह्या प्रकल्पाखातीर गावात प्रदुषण जावपाक शकता. त्या खातीर, ते विशीं आवाज उठोवचो, अशी तांणी मागणी केली. ह्या  प्रकल्पाक लागून लोकांक बाधिकार जावंक शकता. ते खातीर ताका दिल्ले  सगळे परवाने फाटी घेवचे. ह्याखातीर आपूण सरकाराकडेन उलयतलो, अशें आलेमाव हांणी सांगलें.

Rashmi -

सरकारी शिरवीशेतल्यान निवृत्त जावपा आशील्ल्या कांय सरकारी कर्मचाऱ्यांक, सरकारान निवृत्ती उपरांतचो कार्यकाळ वाडयत राविल्यान, पात्र आशील्ल्या तरणाट्यांक संद आसुन लेगीत, शिरवीस मेळना. तशेंच सरकारी कर्मचाऱ्यांची बढटी जायना, असो आरोप काँग्रेस पक्षाचे सांताक्रूझ मंडळाचे अध्यक्ष आनी आदले गोय सरकारी कर्मचारी संघटनेचे अध्यक्ष जॉन नझारेथ हांणी केला. पणजे आझाद मैदानाचेर घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार ते उलयताले.

गोंयात बेरोजगारी वाडटा. तरणाटे निराश जाल्यात, जाल्यार बरे काम करपी कर्मचाऱ्यांचेर अन्याय जाता, अशे तांणी म्हळा. फुडल्या 15 दीसा भितर, अशा कर्मचाऱ्यांक सरकारान जर सेवेतल्यान काडले ना जाल्यार, अशा अधिकाऱ्यांक घेराव घालतले, अशी शिटकावणी नझारेथ हांणी दील्या. अशा सरकारी अधिकाऱ्यांच्या नावांची म्हायती दीवन तांका सेवेतल्यान निवृत्ती दीवची, अशी मागणी करपी पत्र आपणे मुखेलमंत्र्याक बरयला, अशीय म्हायती तांणी दील्या.

GSSC गणेश -

राज्य कर्मचारी भरती आयोगा वतीन लॅबोरेटरी असिस्टंट, ज्युनियर रीसर्च असिस्टंट आनी हेर पदां खातीर, पयली सीबीटी परिक्षा २८ फेब्रुवारी आनी १ मार्चाक जातली. आयोगान परीक्षेची सुवात तशेंच परीक्षेचें वेळापत्रक जाहीर केलां.

DIVYANG SUBHASH -

दिव्यांग विद्यार्थ्यां खातीर आशिल्ल्या, उच्च शिक्षणा खातीर सुदारीत शिश्यवृत्ती येवजणेची अधिसुचोवणी जारी जाल्या. सुमार 4 हजार 500 वेगवेगळ्या दिव्यांग विद्यार्थ्यांक हाचो लाव जातलो. अधिसुचोवणे प्रमाण, पोरन्या येवजणेच्या जाग्यार, ही नवी येवजण चालीक लायल्या. 40 टक्के वा चड अपंगत्व आशिल्ल्या विद्यार्थ्यांक, हे येवजणेचो लाव मेळटलो. विद्यार्थ्या कडेन udid कार्ड, आधार कार्ड आनी आधारा कडेन जोडिल्लें बँक खातें, आसपाक जाय.

RASHMI CHINMAY -

चिन्मय मिशन ७५व्या वर्सा निमतान, उत्सवाचो एक भाग म्हूण मिशनाचे जागतीक मुखेली स्वामी स्वरूपानंद हांणी, देशातल्या वेगवेगळ्या केंद्रांनी वेगवेगळयो कार्यावळी आयोजीत केल्यात. हांतुतली मुखेल कार्यावळ म्हणल्यार, चोप्पन कुंड समष्टी हनुमान चालीसा हवन. गौयांतुय ही कार्यावळ जातली, अशी म्हायती चिन्मय मिशनाचे गोंय मुखेली आनी नामनेचे उद्देजक श्रिनिवास धेंपो हांणी पणजे आयोजीत केल्ल्या पत्रकार परीशदेत दील्या. चिन्मय मिशन पणजी केंद्र 22 फेब्रुवारी 2026 दिसा, सकाळीं 8 ते दनपारां देड मेरेन campal  पणजी हांगच्या, दयानंद बांदोडकार मैदानाचेर, श्री हनुमान चालीसा हवन आयोजित करता.

टी-20 क्रिकेट -

दादल्यांच्या टी-20 क्रिकेट विश्वचषकांत, काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांत जाल्ले ग्रुप सी मॅचींत ,नेपाळान स्कॉटलंडाक सात विकेटींनी हारयलो. आयज तीन मॅची जावपाच्यो आसात. अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमार, आयज सांजे 7 वरांचेर जावपी ग्रुप ए मॅचींत, भारत नेदर्लंडसा आड खेळपाचो आसा.

वेदर   -

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, चडान चड तापमान 34 पूज्य 7 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 20 पूज्य 8 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र, तुमका आयकुपाक मेळटले, आयज सांजे ७ जावन २० मिनटांचेर, नमस्कार